**विद्यार्थी संसद सर्त 13 फेब्रुवारी सावन सुरू**

ता. 12 फेब्रुवारी 2019
23 माघ 1940

विद्यार्थी वर्गामदीं आत्मविस्वास, शिस्त, संवाद कला, सहिश्णूता, वक्तृत्व आनी हेर मुल्यांची रूजवण करपाखातीर गोंय विधानसभा सचिवालयान गोंय विधीमंडळ मंचाच्या सहकार्यान विद्यार्थी संसद सर्त-2019 ता. 13 ते 21 फेब्रुवारी 2019 मेरेन पीएसी/पीयूसी कक्ष, विधानसभा प्रकल्प पर्वरी हांगा आयोजित केल्या हे सर्तींत गोंय राज्यातली 21 महाविद्यालयां वाटो घेतली.

ता. 13 फेब्रुवारी 2019 दिसा सकाळी 10.30 वरांचेर गोंय विधानसभेचे सभापती डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तूकीं सर्तीचे उक्तावण जातलें.

विद्यार्थी, शिक्षक, पत्रकांर आनी लोकांनी विद्यार्थी संसद सर्तीक हजर रावचे, अशें आयोजकांनी मागला.

मा/वाप/एनएन/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/99